# गोंयचे आदले राज्यपाला के. शंकरनारायणन हांच्या निधनाचेर राज्यपालांकडल्यान दुख्ख व्यक्त

ता. 25 एप्रिल 2022

राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयचे आदले राज्यपाल के. शंकरनारायणन हांच्या निधनाचेर दुख्ख उक्तायला. के. शंकरनारायणन हे सप्टेंबर 2011 ते मे 2012 मेरेन गोंयचे राज्यपाल आशिल्ले. तशेंच ते अनेक वर्सां स राज्यांचे राज्यपाल आशिल्लें.

के. शंकरनारायणन हांणी अर्थमंत्री आसतना केरळच्या विकासाक व्हड योगदान दिला आनी ते एक लोकप्रिय नेते आशिल्ले अशीं राज्यपालान तांची तोखणाय केल्या. तशेंच ते नैतिक राजकारणाचे खंबीर समर्थक आशिल्ले. ते एक वेव्हारिक फुडारी आशिल्ले जांचे राजकीय मळार बरे संबंध आशिल्ले. राज्यपालांन तांच्या मल्याळम पुस्तक "अनुपमन जीवनम" च्या प्रकाशनाचो उगडास करून दिलो.

राज्यपालांन तांच्या कुटुंबीयांप्रती संवेदना व्यक्त करून तांच्या आत्म्याक शांती मेळो अशी प्रार्थना केली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/296

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji